**मुख्यमंत्र्यान स्वामी विवेकानंद  हांच्या उगडासाक आर्गां ओपली**

ता. 18 जानेवारी 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज मडगांवच्या दामोदर सालांत भेट दिली जंय स्वामी विवेकानंदान 1892 वर्सा आपल्या गोंयच्या इतिहासीक भेटीत एक सप्तकभर राबितो केल्लो. अमेरीकेतल्या शिकागोच्या भेटीर वयची पयली स्वामी विवेकानंद गोंयच्या भेटीर आयिल्ले.

ह्या वेळार आयोजीत कार्यक्रमात उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी शांतीकायेचो आनी सलोख्याचो समाज घडोवपा खातीर तरणाट्यांनी आपल्या जीणेत स्वामी विवेकानंदाचे आचार-विचार आचरणात हांडपाचो उलो मारलो. स्वामी विवेकानंदाची जीण तरणाट्यांखातीर प्ररणादायी आशिल्ल्याचे मुख्यमंत्र्यान म्हणले.

स्वामी विवेकानंदान आपल्या गोंयच्या भेटीत ज्या वास्तूंत राबितो केलो त्या दामोदर सालांत भेट दिवप हे म्हचे भाग्य आसा, अशें सांगून मुख्यमंत्र्यान  भावी पिळगेखातीर ही पवित्र वास्तू सांबाळून दवरपाखातीर दामोदर सालाच्या मालकांक सरकारा वतीन मदत दिवपात येतली, अशें सांगले.

स्वामी विवेकानंदाचे विचार आनी तत्वज्ञानाचो तरणाट्या पिळगेमदी प्रचार आनी प्रसार करपा खातीर मडगांवच्या रविंद्र भवनात स्वामी विवेकानंद केंद्राची स्थापणूक करपाचो सरकाराचो विचार आशिल्ल्याचेय मुख्यमंत्र्यानी सांगले.

स्वामी विवेकानंदाच्या जयंती निमतान  राज्य सरकारान 12 जानेवारी सावन सप्तकभर वेगळ्या वेगळ्या कार्यक्रमांचे आयोजन केला. मुख्यमंत्र्याची आयची दामोदर सालांतली भेट ह्या कार्यक्रमाचोच एक भाग जावन आसा.

स्वामी विवेकानंद 1892 वर्सा गोंय भेटीर आयिल्ले आनी मडगांवा दामोदर साल म्हळ्यार सुबराय नायक हांच्या घरांत तांचो राबितो आशिल्लो. ख्रिश्चन धर्माचो अभ्यास करपा खातीर तांणी राशोलच्या सेमीनारींत भेट दिल्ली. तांणी गोंयांत हिंदू आनी ख्रिश्चन धर्माचो अभ्यास केलो.

मुख्यमंत्र्यान आपल्या भेटीत दामोदर सालांत श्री दामबाबाचे दर्शन घेतले. दामोदर सालाचे मालक श्री. प्रदीप नायक हांणी मुख्यमंत्र्याक फुलांतुरो भेटोवन येवकार दिलो.

हया वेळार मडगांवच्या रविंद्र भवनाचे अध्यक्ष श्री. दामू नाईक, श्री. भाई नायक आनी हेरांची उपस्थिती आशिल्ली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/77

-

-

-

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity